# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं

ता. 24 डिसेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून ख्रिश्चन भावांक नातलांची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून ख्रिश्चन भावांक म्हजी काळजासावन हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

नातलां म्हळयार जेजू ख्रिस्ताचो जल्म दीस. परमेश्वराचो पूत जेजू ख्रिस्त मनशाक पातकांतल्यान मेकळो करपा खातीर मनशाच्या रूपान भुंयेर आयलो. बायबलांत म्हणला, परमेश्वरान ह्या संवसाराचेर इतलो मोग केला की तांणी आपलो एकुलतो एक पूत आमकां दिलो.

नातलांची परबीं मळयार मोग, करूणा आनी जेजू ख्रिस्ताचो जल्म दीस मनोवप. नातलांची परब जात, पात वा धर्म भेदभाव करीनासतना समस्त लोकांक एकठाय हाडटा. जेजू ख्रितान दिल्ली आनी मानवतेच्या फायद्या खातीर आचरणात हाडिल्ली शांतीकाय, मोग, आनी इश्टागतीच्या मुल्ल्यांची शिकवण वृध्दीगत करपाक हो योग्य प्रसंग जावन आसा. इश्वरान दिल्लो हो संदेश अनेक वायट कृत्यांनी पिडिल्ल्या आयच्या संवसारात म्हत्वाचो आसा. आयज संवसार म्हामारीकडेन झगडटा आसतना सगळया संकश्टांच्या विरूध्द मानवता एकजूट आसा हे दाखोवन दिवपाक हो योग्य वेळ आसा.

जेजू ख्रिस्ताच्या जल्माची परब मनयताना सगळया भक्तांनी कोवीड शिश्टाचाराचे पालन कपाचो उलो मारता आनी आमच्या राष्ट्राच्या बऱ्याखातीर शांतीकाय, मोग आनी इश्टागतीच्या मुल्ल्यांचो आदर करपाची मागणी करता, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1080

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji